**<u>सायबर कॅफे मालकांनी अनवळखी गिरायकांक सेवेचो वापर करपाक प्रतिबंद करपाचो आदेश</u>**

ता. 9 सप्टेंबर 2022

उत्तर गोंय जिल्लोधिकाऱ्यान सुरक्षेच्या कारणाखातीर एका आदेशावरवीं उत्तर गोंय वाठारांतल्या सगळ्यां सायबर कॅफे मालकांक आपल्या कडेन येवपी गिरायकांची वळख पटोवन तांची म्हायती रजिस्टरात नोंद करून दवरपाचो आदेश दिला. गिरायकाचे नाव, नामो, फोन नंबर आनी वळखपत्राची म्हायती रजिस्टरात नोंद करून गिरायकाची सय घेवची. अनवळखी मनशांक वळख सिध्द केले बगर सायबर कॅफे सुविधांचो वापर करपाक दिवचो न्हय. गिरायकांची वळख पटोवपा खातीर गिरायकाकडेन मतदार कार्ड, वाहन चलोवपाचो परवानो, स्मार्ट कार्ड, आधार कार्ड, पासपोर्ट ह्या सारख्या वळखपत्राची मागणी करची. अशी म्हायती स म्हयने तरी सांबाळून दवरपाक जाय. गिरायकाविशीं कसलोय दुबाव आयल्यार लागीच्या पुलीस स्टेशनार वा पुलीस नियंत्रण कक्षाक कळोवचे. त्याचप्रमाण सायबर कॅफे मालकांनी सायबर कॅफेच्या प्रवेश दाराचेर सीसीटीव्ही कॅमेरे बसोवचे.

हो आदेश 8 सप्टेंबर 2022 सावन तत्काळ लागू जाला आनी मदी फाटी घेतलो ना जाल्यार 60 दिसमेरेन म्हळ्यार 6 नोव्हेंबर 2022 मेरेन लागू उरतलो. ह्या आदेशाक पाळो न दिवप्यांचेर भारतीय दंड संहितेच्या कलम 188 खाला कारवाय जातली, अशें आदेशात म्हणला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/515

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji